# दोन उतरां

**(ग्रंथकार स. गोविंदराव रघुनाथ दाभोलकर म्हणल्यारूच अण्णासाहेब हांचें संक्षिप्त चरित्र आनी भक्तांक सुचोवणी)**

महाराष्ट्राचें व्हड भाग्य म्हूण दरेक पिळगेंत कोण ना कोण तरी म्हापुरूस जल्माक येवन जडजीवांचो उद्धार करीत आसता. सुमार **९५** वर्सां आदीं नगर जिल्ल्याची धार्मिक स्थिती साप्प वायट आसली. महाराष्ट्रांतल्या हेर खंयच्याय जिल्ल्या परस ह्या जिल्ल्यांतले दुकळाचे परिस्थितीचो फायदो घेवन थंयच्या गरीब लोकांक ख्रिस्ती धर्माची दीक्षा दिवपाचें काम सुरू जालें, अशा वेळार पिरायेच्या **१५-१६** व्या वर्सा श्रीसाईबाबा शिरडीक आयले. तांच्या आगळ्या अद्‌भूत लिलांचो आनी उपदेशांचो संग्रह ह्या ग्रंथांत स. गोविंदराव (अण्णासाहेब) रघुनाथ दाभोलकर हांणी केलो. तांणी हो ग्रंथ बरोवन श्रीसाईभक्तांचेर व्हड उपकार करून दवरल्यात. अशा ह्या प्रासादीक ग्रंथाचें कोण सात दिसांचें पारायण करतात जाल्यार बरेच जाण दीसपट्टो उणोच एक अध्याय वा कांय ओवयो तरी वाचीत आसतात.

स. अण्णासाहेब दाभोलकर हांचो जल्म **१८५६** वर्सा मार्गशीर्श शु. **५** दिसा ठाणें जिल्ल्यांत कुडाळ देशस्थ, गौड ब्राह्मण ज्ञातींत जालो. तांचे बापूय देवभक्त आसले. तांची घरची परिस्थिती सामकीच गरिबीची., तातूंत तांचे ल्हान पिरायेंतूच बापायक मरण आयिल्ल्यान खर कश्ट घेवन शिक्षण घेवचें पडलें. इंग्रजी पांचवी यत्ता पास जाले उपरांत फुडलें शिकप सोडून घरा रावचें पडलें. घरची परिस्थिती गरिबीची आसली तरीय तांचो सभाव मात दानी आसलो. गरीब स्थितीक लागून आनी जोडीचें आनीक कसलेंच साधन नाशिल्ल्यान तांकां सुरवातीक आठ रुपयांची शाळा मास्तराची नोकरी करची पडली. ती नोकरी उत्कृश्ट रितीन

केले उपरांत कांय दिसानी तांची हुशारकाय आनी मायेस्त सभावाक लागून स. साबाजी चिंतामण चिटणीस (त्या वेळा वयले ठाणें जिल्ल्याचे पालवी जिल्ल्याधिकारी) हांच्या यत्नांक लागून तांकां तलाठ्याची नोकरी मेळ्ळी. मूळच्याच मायेस्त सभावाक लागून गरीब पिडेस्तां विशीं भोवूच कळवळो आसतालो आनी तांची खबर खुशाली घेवपाक खोस भोगताली. तशेंच कश्टी आनी कामा विशीं कर्तव्याची भावना हांकां लागून जिल्ल्याधिकारी साहेबांचें तांचे विशींचें लागींपण दीसपट्टें वाडतूच गेलें आनी थोड्यांच दिसांनी ते महसूल खात्याची परिक्षा पास जावन महाड हांगां **वरिश्ठ** कारकून म्हूण रुजू जाले. मुखार तांकां फॉरेस्ट सेटलमेंट सुवातेचेर बडटी मेळ्ळी आनी थोड्याच दिसांनी भडोच हांगां दुकळ पिडेस्त वाठारांत धाडले. अन्न वांटप करपाची योग्य वेवस्था जाल्ल्यान थंयच्या लोकांचे तांचेर भोवूच प्रेम बसलें. अशे तरेन निरपेक्ष भावनेन केल्ल्या कामाक लागून **१९०१** वर्सा तांची मामलेदार म्हूण कायम नेमणूक केली. उपरांत **१९०३** ते **१९०७** मेरेन तांणी वांद्रे हांगा पयलो वर्ग निवासी न्यायदंडाधिकारी म्हूण काम सांबाळ्ळें. **१९०७** वर्सा तांची खेडा हांगा जिल्ल्यांत जाली आनी **१९१०** वर्सा परत वांद्रे हांगा निवासी न्यायदंडाधिकारी म्हूण नेमणूक जाली. थंय **१९१६** वर्साच्या मार्च म्हयन्या मेरेन काम करून ते सेवानिवृत्त जाले.

स. अण्णासाहेब हे **१९०३** ते **१९०७** वर्सा मेरेन वांद्रे हांगा आसतना थंयचे सॉलिसिटर स. हरी सीताराम दीक्षित हांचे कडेन तांची भोवूच इश्टागत जमली. ते दोगूय श्रीभगवद्गीता वाचताले. दोगांय मदल्या एकाद्याक जर कोणूय महात्मो मनीस मेळ्ळो जाल्यार एकामेकांक ताचे विशीं ते खबर दिताले. दीक्षित हांकां **१९०९** वर्सा स. नानासाहेब चांदोरकर हांकां लागून श्रीक्षेत्र शिरडी हांगाचे श्रीसद्गुरू साईबाबांचें पयलें दर्शन घडलें. अशा अलोकीक म्हात्म्याचें दर्शन स. अण्णासाहेबांकूय घडोवचें म्हूण तांणी आपणाक मेळिल्ल्या दर्शनाची पुराय खबर तांकां आनंद ह्या वाठारांत निवासी न्यायदंडाधिकारी आसतना कळीत केली. ती वाचून अण्णासाहेबांक श्रीसाईबाबांच्या दर्शनाची सामकीच उमळशीक लागली, तातूंतल्यान तांणी एक म्हयनो रजा मेळची म्हूण

आपल्या उत्तर वाठार आयुक्ताक अर्ज धाडलो. मात ताचेर 'सध्या रजा दिवप शक्य ना' असो शेरो मारून तांणी तो परत धाडलो. कांय दिसां उपरांत आयुक्ताकूच आनंद वाठारांत येवचें पडलें. ते थंय राविल्ले आसतना अण्णासाहेबांनी तांची भेट घेवन आपणाची वांद्र्याक तरी बदली करची अशी नमळायेन मागणी केली. पूण आयुक्तान तीय न्हयकारली. कित्याक तर वांद्रे हांगा आदीं दोन फावटीं तांणी काम केल्लें आशिल्ल्यान थंयच परत तांची बदली करप तांकां योग्य दिसलें ना. अण्णासाहेबांक तर बाबांच्या दर्शनाची सामकीच उमळशीक लागिल्ली. तातूंतल्यान श्रीगुरूमाऊलीचें काळीज कळवळ्ळें आनी तांणी अजापीत करणी केली. आयुक्त साहेबांचो राबितो आठूच दिसां उपरांत अचकीत आनंद वाठारांतल्यान ठाण्याक आयलो आनी तितल्यान एका पालवी जिल्ल्याधिकाऱ्याच्या अचकीत मरणाक लागून हेर अधिकाऱ्यांच्यो हेवटेन तेवटेन बदल्यो करतना वांद्र्याची सुवात रिती उरपाक लागली. ताका लागून आयुक्तान ताकतिकेन आदेश काडून अण्णासाहेबांक वांद्रे हांगा निवासी न्यायदंडाधिकारी म्हूण नेमणूक केली. त्या पदाचो ताबो घेतले उपरांत तांणी धा दिसांची किरकोळ रजा घेतली आनी आपल्या पुराय कुटुंबा सयत श्रीसद्‌गुरू साईबाबांचें पयलें दर्शन घेतलें. त्या वेळा वयले ते भेटीचो सुवाळो कितलो म्हूण वर्णुचो ! सद्‌गुरू माऊलीन सुचक रुपान तांचो आदलो इतिहास सगल्यां मुखार सांगलो. तो आयकून तर ते भोवूच अजापीत जाले ! मुखार सद्‌गुरूरायांक तांचे विशीं उपाट प्रेम निर्माण जावन तांणी तांकां '**हेमाडपंत**' हो भोवमान दिलो, आनी आपले उपरांत तांचे कडल्यान श्रीसाईसच्चरिताचे **५२** अध्याय पूर्ण करून घेतले. ते साईलीला म्हयनाळ्यांत उजवाडाक आयल्यात. निमाणो **५२** वो अध्याय मरण येवचे दोनूच दीस आदीं तांणी छापपाक धाडिल्लो आनी हो आपलो निमाणो अध्याय म्हूण आपल्या कांय इश्टांक तशेंच सोयऱ्यांक दोन-तीन दीस आदींच कळीत केल्लें. **१९१६** वर्सा तांणी पेन्शन घेत सावन आपली जीण परमार्थ आनी दुसऱ्यांचेर उपकार करपा खातीर घालयली.

तांचे दीसपट्टे भगवत्सेवेचे नेम अनेक आसताले. न्हावप-धुवप पूर्ण केले उपरांत श्रीगुरूचरित्र वाचप, श्रीविष्णुसहस्रनामाचें पठण, एकनाथी भागवत आनी रामायण वाचप, कांय उपनिषदां आनी श्रीमद्‌भगवद्‌गीता हे सारक्या अध्यात्मीक ग्रंथांचो अभ्यास करप असो तांचो वावर आसतालो. अखेरेक अदमास म्हयनोभर ते दीसपट्टे श्रीकृष्ण-मरणाचो श्रीएकनाथी भागवतांतलो विसावो अध्याय व्हड प्रेमान वाचताले. हे सगले नेम पाळून ते शिरडी संस्थानांत श्रीसाईलीला म्हयनाळें हे सारकीं सगलीं कामां करून त्या कामांची दीसपटी वेवस्थीत बरोवन दवरताले.

कोणूय गिरेस्त वा गरीब मेळपाक आयलो जाल्यार ताचे खातीर मुजरत वेळ दिवन प्रेमान उलयताले. ताका खावंक पियेवंक दिले बगर धाडिनासले. तांची वृत्ती सदांच खुशालेची आसताली. कथा-किर्तना आयकुपाची आवड आशिल्ल्यान आपोवणें मेळपाची वाट पळयनासतना आयकुपाक वताले. गरीब विद्यार्थ्यांक शिकपा खातीर तांणी बरोच आदार केल्लो आसा. कोणेंय कितेंय मागलें जाल्यार ते केन्नाच ना म्हणीनासले. स्वता गरिबी पळयिल्ल्यान गरिबांच्यो अडचणी वळखून शक्य तितलो आदार करताले. सगल्या जातींतले तांचे इश्ट आसले.

अशे तरेन स. अण्णासाहेबांनी प्रपंच करून परमार्थूय उत्तम तरेन केलो. **१५** जुलय **१९२९** दिसा स्वताच्या बंगल्यांत एखाद्या योग्याक सोबतलें अशे तरेन तांकां मरण आयलें.

श्रीसाईनाथांचे कृपेन, अण्णासाहेबांनी ह्या ग्रंथाच्या रुपान ही मोलादीक देणगी आपले फाटल्यान दवरल्या. तिचो उपेग वाचप्यांनी मुजरत करून घेवचो. निमाण्या अध्यायांतल्या **१८२** ते **१९४** ह्या ओवयांतल्यान सुचयिल्ले प्रमाण ह्या ग्रंथाचें पारायण वा सप्ता करून साईभक्तांनी अणभव घेवचो.

श्रीसाईम्हाराजांचे भक्त स. हरी सीताराम दीक्षित हांणी ह्या ग्रंथाचे **३५** अध्याय पूर्ण जाले उपरांत श्रीसाईलीलेंत एक उपोद्घात उजवाडायलो. तेच परीं ग्रंथ पूर्ण जाले उपरांत साईभक्त स. बाळकृष्ण विश्वनाथ देव हांणी प्रस्तावना बरयली. श्रीसाईम्हाराजां कडेन येवपी हजारांनी भक्तां मदले श्रेश्ठ अण्णासाहेब दाभोलकर हे एक आसले. स. अण्णासाहेबां कडल्यान ह्या प्रासादीक ग्रंथाचे **५२** अध्याय पूर्ण जाले उपरांत **५३** व्या अध्यायाची म्हणल्यारूच अवतरणिकेची टिपणांय तांणी तयार केल्लीं, पूण त्याच वेळार अण्णासाहेबांनी ह्या संवसाराचो निरोप घेवन श्रीसाईंच्या चरणां कडेन विलीन जाल्ल्यान तीं टिपणां मेळ्ळीं नात. स. बाळासाहेब देव म्हणल्यारूच 'बाबांचे बाळ' हांणी ही अवतरणिका पूर्ण केली. वयर सांगिल्लो उपोद्घात आनी प्रस्तावना अशे दोनूय लेख ह्या ग्रंथांत दिल्ले आसले तरीय स. देव हांचे प्रस्तावनेंत ग्रंथवाचनाचें म्हत्व तशेंच गुरूचरित्राचेर आयज मेरेन कितले आनी कोणें ग्रंथ बरयले ते विशींची म्हायतीय पुरायेन दिल्ली आसा.

हालीं मुंबय, पुण्यां, गुजराथ, कलकत्ता, मद्रास हे सारक्या शिरडीच्यान बरेच पयस आशिल्ल्या वाठारांनीय श्रीसाईनाथ म्हाराजांचे उत्सव भौशीक रितीन मनयतात. तेच परीं वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान व्हडा संखेन लोक तांचे समाधेचें दर्शन घेवपा खातीर दीसपट्टे शिरडीक येतात. अशा वेळार दरेकल्यान भोव सादुरकाय बाळगुची अशी सुचोवणी दिवची अशी दिसता. ''आपूण बाबांचो लागींचो शिश्य, आपणा कडेनूच बाबा प्रत्यक्ष उलयतात, तुजे खातीर अमूक संदेश दिला, तुजें म्हणणें आपूण बाबां मेरेन पावयतां, तुजें काम रोकडेंच जातलें,'' अशे तरेची बुवाबाजी बरेच कडेन चालू जाल्या अशें दिसून येता. इतलेंच न्हय तर प्रत्यक्ष शिरडींत पसून अशे बरेच लोक आसात. ''श्रींची प्रार्थना केले उपरांत सदांच बाबा आपणा कडेन उलयतात'' असो प्रचार आपल्या इश्टांच्या माध्यमांतल्यान करपाक ते फाटीं सरनात. एकामेकांच्या सांगण्यां वयल्यान पयलेच फावट शिरडी आयिल्लो मनीस शिरडीची चड म्हायती नाशिल्ल्यान अशा बुवांच्या भुलोवण्याक फसपाची बरीच शक्यताय आसता.

श्रीसाईबाबा प्रत्यक्ष परमेश्वर आशिल्ल्यान पूर्ण श्रद्धेन आनी मनाकाळजांतल्यान केल्ली प्रार्थना तांकां पावता, ते खातीर मध्यस्थांची गरज लागना. हाचो अणभव तांच्या हजारांनी भक्तांक आयिल्लो आसा. तांचे समाधेचें दर्शन, तांचें स्मरण, मनन, वाचन, बी करता आसत जाल्यार हाचो अणभव खात्रेन येता. श्रीसाईबाबांच्या वेळारूय अशे बरेच धोंगी लोक थंय येताले आनी लज काडून घेवन परत वताले. स. मुक्ताराम (रावेर, खानदेश) हे श्रींच्या वेळार शिरडींत आसले. श्रीसाईनाथांनी देह दवरले उपरांत दोनू दिसांनी ह्या गृहस्थान थंयच्या लोकांक सांगलें, ''श्रीबाबांनी म्हाकाच आपले सुवातेर द्वारकामाईंत बसपाचो आदेश दिल्लो आसा. हांव तांचो वारस आसा.'' स. तात्याबा कोते पाटील, श्री. रामचंद्र पाटील हांचे सारक्या मानेस्तांनी तांकां तशें करचें न्हय म्हूण समजावन सांगलें, पूण कोणाचेंच आयकनासतना सगल्यांक धांवडावन घालून ते थंय वचून बसले. रोखड्योच तांकां पोंदच्यान सुयो तोंपपाक लागल्यो आनी रगत येवपाक लागलें. ते सुवाते वयल्यान कुशीक वचून बसले तरीय तीच स्थिती जाली. अखेरेक सात-आठ दिसांतूच भिरांकूळ परिस्थितींत श्रींची माफी मागून तांणी प्राण सोडलो. तांची समाधी लेंडीबागेंत आसा. असोच हक्क सांगपी आनीक तीन-चार गृहस्थ त्या वेळार आसले. पूण मुक्तारामाची परिस्थिती पळयले उपरांत ते शिरडींतल्यान दुसरे कडेन गेले.

असो कोणूय धोंगी बुवाबाजी करपाक लागलो, स्वताक कोणतरी व्हड म्हाराज म्हूण मिरोवपाक लागलो जाल्यार ''बरोबरी करपाक सोदता व्हय?'' अशें म्हणून श्रीसाई ताका जागे करताले. इतलें आसुनूय आयज पसून श्रीसाईंचे द्वारकामाईंत आनी समाधी देवळांत कांय लोक ''श्रीसाई आपले भितर अवतीर्ण जाल्यात,'' अशें लोकांक भासोवन तांचे कडल्यान स्वताच्या पांया पडून घेतात. आपल्या सद्‌गुरूची बरोबरी करपाचें धाडस जे मनीस करतात तांची अखेर कशी जाता तें वयल्या प्रकारांतल्यान दिसून येतलें.

अशा कृत्यांक उर्बा दिवपी भोवतेक सुशिक्षीत समाजांतलेच आसून अशा म्हाराजांचें प्रस्थ वाडोवपा खातीर ते आपल्या हस्तकांच्या आदारान प्रचारूय नेटान करतात. संवसारांत दरेका बाबतींत जशे साधू तशेच धोंगीय मेळटात. परमार्थाचे बाबतींत जाल्यार तांचो आंकडो बरोच व्हड आसा. कित्याक तर परमार्थ हो बुद्धीचे तांकी भायलो विशय जाल्ल्यान तातूंत थोडे तरी श्रद्धे बगर पावल मुखार पडप अशक्य. खोटो पयसो नाका म्हणलो म्हूण वेव्हार जातलो व्हय? पूण जे परीं आमी तो पारखून घेतात तसोच साधवाकूय पारखून घेवचो पडटा. बाबा सदांच म्हणटाले, ''म्हजीं हाडां समाधेंतल्यान उलयतलीं, लोक मुयां भशेन येतले. म्हज्या लेकरांक हांव चिमणे वरीं पांयांक दोर बांदून म्हजे कडेन हाडटलों.'' तांचो अणभव आतां येता.

**बुडती हे जन न पहावे डोळां । म्हणुनी कळवळा येतो त्यांचा ।।**

अशीं संत तुकाराम म्हाराजांचीं उतरां आसात. खऱ्या साधवाचें अंतस्कर्ण मनीस कुळयेच्या उद्धारा खातीर तळमळटा. हें काम हेर लोकांच्या प्रचारकार्यान जावचें ना. प्रचार करप्यांकूय सद्‌गुरूचो आदेश (आशिर्वाद) आसचो पडटा.

भोवतेक सुरवातीक मनीस आपलो हेत साध्य जावचो म्हूण ईश्वराची प्रार्थना करता वा अशे पवित्र सुवातेंत वा एखाद्या सत्पुरसाच्या दर्शनाक वता. हालीं हजारांनी लोकांक श्रीबाबांचे अणभव आसून धोंगीय बरेच कडेन रुपडीं चडोवन वावरत आसात. श्रीसाईम्हाराज 'जल्मसिद्ध' पुरुस आसले. हेत साध्य करपाक साधकांचो यत्न हो आसपाक जायच, पूण निखट्या यत्नांतल्यान येस मेळना. त्या यत्नांत येस येवपा खातीर ईशकृपेचो आदार जाय पडटा. परमार्थ साधकांचीय तीच गजाल आसा. साधकांच्या यत्नांक येस येवपाक गुरूकृपा जाय. गुरूकृपे बगर परमार्थांत योग्य स्थान मेळोवप शक्य ना. गुरूकृपे वांगडाच ईशकृपाय जावपाक जाय.

**गुरूद्वारा पाविजे ज्ञान । तेथें ईश्वराचा आभार कोण । तेथ ईश्वरकृपेवीण । सद्‌गुरू जाण भेटेना ।।**
**झालिया सद्‌गुरूप्राप्ति । ईश्वरकृपेवीण न घडे भक्ति । सद्‌गुरू तोचि ईश्वरमूर्ति । वेदशास्त्रार्थी संमत ।।**
**गुरूईश्वरां भिन्नपण । देखे तो नागवला आपण । एवं ईश्वरानुग्रहें जाण । ज्ञानसंपन्न होय जीवु ।।**

(ए. भा. अ. २२)

ईश्वरी कृपेबगर सद्‌गुरूची भेट घडप शक्य ना, अशें योगवसिष्ठांत हाचे वयल्यानूच म्हणलां. मायेस्त आवय बापूय मेळप हेंय पुरायेन बऱ्या नशिबाचेरूच आदारून आसता.

श्रीसाईबाबांची गुरूकिल्ली सामकी वेगळी आसा. जशे परीं कायस आपल्या पिलांक कांयच खावंक दिले बगर फकत नदरेचे उबेनूच तांचें पोट भरता, तेच तरेन आमच्या सद्‌गुरून कोणाकूच कसलोच उपदेश वा मंत्र दिनासतना आपले कृपेनूच वेळावेळार भक्तांचे योग्यताये प्रमाण तांकां ब्रह्मानंद मेळोवन दिला. श्री. ह. भ. प. दासगणूम्हाराजांक पंढरपूर वारयेक वचपाची भोवूच गरज दिसपाक लागली तेन्ना आपुणूच श्रीपांडुरंग आसां, पंढरीक वचपाची गरज ना, हें दाखोवपा खातीर शिरडीतले द्वारकामाईंतूच स्वता श्रीपांडुरंग जावन श्रीसाईंनी तांकां दर्शन दिलें. स. बापुसाहेब जोग हांणी श्रीसद्‌गुरू अक्कलकोट स्वामीजींचें दर्शन घेवपाची इत्सा उक्तायली. तसो तांणी हट्टूच धरलो आनी दनपारच्या आरतींक पसून आयले नात. आरतींच्या वेळार श्रींनी दोन फावट आपोवणें धाडले उपरांत ते आयले. आरती जाली आनी बाबांमुखार नमस्कार करतना थंय हाजीर आशिल्ल्या सगल्यांकूच श्रीसाईनाथांनी श्रीअक्कलकोट स्वामीच्या रूपांत दर्शन दिलें. अशा म्हात्म्याची कृपा मेळोवपाक मध्यस्थाची गरज आसा व्हय? जे परीं श्रीपांडुरंग, भगवान श्रीकृष्ण, रामचंद्र प्रभू ह्या देवतांचे कोणूच शिश्य जावपाक शकनात तशेच श्रीसद्‌गुरू साईनाथांचेय कोणूच शिश्य तांचे

जितेपणी जाले नात. आतांय नात आनी फुडेंय नात. आमी सगले तांचे भक्त आसात. प्रेमान आपले देवतेक प्रसन्न करून घेवपाक मेळटा, हें ह्या ग्रंथांतल्या अणभवां वयल्यान दिसून येतलें. हलींच्या तेपारूय अशे अणभव भोवतेक दरेकल्याक येत आसात. श्रीसाईनाथांक लागुनूच शिरडी गांवांक म्हत्व आयलें. इतलेंच न्हय तर पंढरपूर, गाणगापूर, नाशिक, रामेश्वर, बद्रीनारायण, प्रयाग, काशी हांचे प्रमाणूच शिरडी हेंय एक तिर्थक्षेत्र जाल्लें आसून जागृत सुवात म्हूण नामना जाल्या. म्हणून श्रीसाईबाबांक संत, गुरू वा देव मानप्यांक परत सुचोवचें अशें दिसता कीं, श्रींच्या चरणां कडेन जें मागणें आसतलें तें शिरडींत वा धर्तरेचे फांटीचेर खंयूय रावून भक्तीभावान  आनी विस्वास दवरून मागचें. सबुरी दवरची. धरिल्ली इत्सा पूर्ण जातली. मात नकळटना धोंग्यांच्या भुलोवण्यांक फसून स्वताचें आनी हेरांची फसवणूक करची न्हय.

श्रीसाईबाबांचे परमभक्त स. हरी (काका) सीताराम दीक्षित हांचो उल्लेख ह्या ग्रंथांत बरेच कडेन आयला. ते बाबांचे निस्सीम भक्त आसले. दक्षिण भारतांतल्या एक दोन भक्तांनी उजवाडायिल्ल्या केल्ल्या पुस्तकांनी श्रीसाईबाबा हे मुसलमान आसात आनी तांचो जल्म हैदराबादांत एका गांवांत जाल्लो अशें म्हणलां. ते विशीं स. दीक्षित हांणी **२५** वर्सां आदीं श्रीसाईलीलेंत उजवाडायिल्ल्या उपोद्घातांत सुरवातीकूच म्हायती दिल्ली आसा. बाबांचें नांव ''साईबाबा'' कोणी दवरलें, बाबां कडेन येवपी गृहस्थ, त्या वेळा वयली परिस्थिती हे सारकी म्हायती भरपूर आशिल्ल्यान हो उपोद्घात ह्या ग्रंथाचे सुरवातीकूच दिला. श्रींचे कान तोपिल्ले आसले अशें श्रींच्या सांगातान राविल्ले रामचंद्र दादा पाटील, सगुण मेरू नाईक, बाप्पाजी रत्नपारखी, दगडू सोनार हांचे सारक्या शिरडींतल्या गृहस्थांनी सांगिल्लें. बाबा हिंदू आसले वा मुसलमान हाचे विशींचें संशोधन करपाचें कसलेंच कारण ना. ते विशीं सातव्या अध्यायांत हेमाडपंतांनी बरयिल्लें आसाच. श्रीसाईं कडेन सगले धर्म आसले. रूख कितलोय व्हड आसूं, तें कोणें रोयलें वा ताचेर फळां कितलीं आसात, हे सारकी म्हायती मेळोवपाचे भानगडींत पडनासतना आमी त्या रुखा वयलीं गोड फळां

कर्शी मेळटलीं हेंच पळयतात. मात साधू-संतांची जात-धर्म सोदपाचो मोह आमी आडावंक शकनात.

आमच्या धर्मांत मनशान आपलो दीसपट्टो जीणेक्रम कसो चलोवचो हाचे विशीं बरेच नेम आसात. तातुंतूच प्रार्थनेचो आसपाव जाता. प्रपंचांत रावून निर्विकल्प प्रार्थना करप्याक मुक्ती मेळपाक शकता हें तत्व संत तुकाराम आनी एकनाथ म्हाराज हांणी दाखोवन दिल्लें आसा. प्रार्थनेंत नामस्मरण, किर्तन, मनन हांचो आसपाव जाता. धर्मीक ग्रंथांचें वाचन होय ताचोच एक वांटो, प्रार्थनेचो आसा म्हणपाचें श्री. देव हांचे प्रस्थावनेंतल्यान दिसून येतलें. आमच्या दीसपट्ट्या **२४** वरां मदली उणीच **२४** मिनटां पसून जर मन एकाग्र करून प्रार्थने खातीर खर्च केली, जाल्यार पसून मन शांत जातलें. प्रार्थनेची शक्त वर्णनेभायली आसा. फाटल्या जल्मांतले पुण्याये प्रमाण ऐहीक सुखदुःखां मनशाक भोगपाचीं आशिल्ल्यान नशिबांत आशिल्लें कोणूच टाळपाक शकना. हें खरें आसलें तरीय ह्या जल्माची सेवा आनी सत्कृत्यां फुडल्या जल्मांचें भांडवल थारत आसता. प्रार्थना ही वैयक्तीक वा सामुदायीक आसूं, ती ते ते श्रेणीन येशस्वी थारत आसतात. साधक वा मोक्षाची इत्सा धरपी कोणूय आसूं, ताणें आपल्या गुरूचेर सत्य प्रेम दवरून स्वतंत्र बुद्धीन विचार, अभ्यास वा निदिध्यास केलो जाल्यार जाचे ताचे योग्यताये प्रमाण गुरूकृपा जातली ही खात्री आसा.

**गुरूपुनव, ता. १८-७ -१९५१**

**शिरडी** **नागेश आत्माराम सावंत**